२३-०४-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

**प्रशिक्षण कार्यावळी**

गोंयात इकरावी यत्तेखातीर २०२६-२७ शिक्षणीक वर्सासावन राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू जातले आनी ते तयारेखातीर शिक्षकांक प्रशिक्षण कार्यावळी सुरू जाल्यात. गोवा राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन प्रशिक्षणाची सत्रां सुरु केल्यात. याच माळेत आयज पोन्या गोंया , उच्च माध्यमिक एकावन्टन्सी शिक्षकांखातीर एका कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. पारूल विद्यापिठाच्या वाणिज्य फांट्याचे मुखेली डॉ. उदित वर्शीत हांणी हया कार्यशाळेचे संचालन केले. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाप्रमाण शिकोवपाच्या पद्धतीत आता मोठे बदल अपेक्षित आसात. ते बदल घडोवपाक शिक्षकांनी नव्यो गजाली शिकून घेवन आपल्याक नव्या धोरणाच्या अंमलबजावणेक तयार दवरचे अशें डॉ. उदित हांणी सांगले. गोवा एस सी ई आर टीचे समन्वयक गोविंदराज देसाई हांणी येवकाराचे उलोवप केले. अखिल गोंय एकावन्टन्सी संघटनेचे अध्यक्ष लिन्सन थॉमस हांणी मुखेल उलोवप्याची वळख करून दिली.

**नवीन अभ्यासक्रम**

पेडणेच्या सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालयांत सरकारान 2025-26 शालेय वर्सा चार नवीन अभ्यासक्रम सुरू केल्यात. बॅचलर ऑफ बिजनेस एडमिनिस्ट्रेशन (बीबीए), बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन सायकोलॉजी, बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन स्पोर्टस् एण्ड सायन्स, आनी बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन बायोटेक्नोलॉजी अशें नवीन अभ्यासक्रम आसात. विद्यार्थ्यांक ऑनलायन प्रवेश प्रक्रियेविशीं मजत करपा खातीर महाविद्यालयांत हेल्पडेस्क सुरू केला.

नवीन शालेय वर्सा खातीर 11 एप्रिलाच्यान प्रवेश प्रक्रिया सुरू जाल्ली आसून निमाणी तारीख 30 एप्रिल 2025 आसा. बीबीए अभ्यासक्रमाक 60 विद्यार्थ्यांक प्रवेश दितले जाल्यार हेर अभ्यासक्रमांक 30 विद्यार्थ्यांक प्रवेश दितले.

आयपीएल - ९०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक ११ धावंड्यांनी हारयले. आरसीबीन  २० षटकांत पाच बाद २०५ धावंड्यो केल्ल्यो. विराट कोहलीन सगळ्यात चड ७० धावंड्यो केल्यो, तर देवदत्त पडिक्कल हांणे ५० धावंड्यो केल्यो.

उपरांत राजस्थान रॉयल्स पंगडाक निर्धारित २० षटकांत ९ बाद १९४ धावंड्योच करप शक्य जाले. यशस्वी जयस्वाल हांणे  ४९, जाल्यार  ध्रुव जुरेल हांणे ४७ धावंड्यांचे योगदान दिले. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूरुच्या जोश हेझलवूड हांणे ४ गडे बाद केले.

आयज चेन्नई सुपर किंग्ज पंगड सनरायझर्स हैदराबाद पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ चेन्नईच्या एमएम चिदंबरम स्टेडियमात सांजे ७.३०क जातलो.

राष्ट्रपती - ६०

पोप फ्रान्सिस हांच्या निमणेसंस्कारात वाटेकार जावपाखातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज व्हॅटिकन सिटीच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतल्यो.

राष्ट्रपती मुर्मू भारत सरकार आनी नागरिकांच्यावतीन संवेदना उक्तायतल्यो.

राष्ट्रपती आयज सेंट पीटर्स बॅसिलिकात पोप फ्रान्सिस हांका आर्गां ओपतल्यो, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या निवेदनात म्हळा. राष्ट्रपती फाल्या तांच्या निमणेसंस्कारात हजर रावतल्यो. संवसराभरातले हेर मानेस्त लेगित हेवेळर हजर आसतले. पोप फ्रान्सिस २१ एप्रिलाक संवसाराक अंतरले.

**(BLOs)**

भारतीय वेंचणूक आयोगान नवी दिल्ली हांगाच्या इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमोक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट संस्थेत बूथ लेव्हल ऑफिसर्स (BLOs) खातीर 2 दिवसांचे प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन केला.बिहार विधानसभेची वेंचणूक लागी पाविल्ली आसून राज्यांतल्या बीएलओं क प्रशिक्षित करपा खातीर पंगडांनी प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.बीएलओ क तांची भूमिका आनी जबाबदाऱ्यांची म्हायती करून दिवप आनी त्रुटीमुक्त मतदार यादी सुनिश्चित करप हो प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.जगात भारतीय वेंचणीक प्रक्रियेची तोखणाय जाता आनी वेंचणूक प्रक्रियेची म्हायती जाणून घेवपा खातीर ऑस्ट्रेलिया, युनायटेड किंग्डम, अमेरिका, ब्राझील, इजिप्त, फ्रान्स, इंडोनेशिया, इस्रायल, रशिया, दक्षीण आफ्रिका ह्या

सारख्या मोठ्या लोकशाय देशांसयत 141 देशांतल्या तीन हजारा परस चड प्रतिनिधींनीय अशा प्रशिक्षण कार्यक्रमांचो लाव घेतला.

**"प्रयोगसांज**

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या "प्रयोगसांज" कार्यक्रमात शेनवार ता. 26 एप्रिल 2025 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा बालभवन गोंय, बालभवन केंद्र होंडा साखळी आनी कारापूर

हांचे वतीन “रानतळी वाघाचो बळी” ह्या कोंकणी एकांकीका कलाकृतीचे सादरीकरण करपात येतले. ह्या कलाकृतीचे लेखन डॉ. दुर्गेश चंद्रकांत माजीक, दिग्दर्शन शाबलो गावकर, पार्शवसंगीत आतिश कारापूरकर आनी निखिल म्हार्दोळकर हांचे आसा. नेपथ्य-वेशभूषा रोहिल सातोस्कर, मनोज देसाई, विस्मय वळवईकर आनी नृत्य दिग्दर्शन कविता देसाय, अदिवता नाईक, वैष्णवी गावडे हांचे आसा.ह्या सादरीकरणात कु. मयुरेश च्यारी, अदिवता नाईक, तुषार गावस, शुभा मळीक, भुमिका तुळे, आरव गावकर, कविश बेतकीकर, स्वरा मोरजकर, वैष्णवी गावडे, सुमेधा सावंत, सान्वी नावेलकर, प्रणव गावस, साईराज परब आनी प्रणव शिरोडकर हांची भुमिका आसा.

हवामान - ३०

राज्यांत फुडल्या 2 ते 3 दिसानी राज्यांतलें तापमान चडांत चड ३५ आंव सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 27 अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला .२३एप्रिल तें २६ एप्रिल मजगतीं राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.